**राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती दिसाची परबीं**

ता. 18 डिसेंबर 2022

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक गोंय मुक्ती दिसाची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा,गोंय मुक्ती दिसाच्या ह्या इतिहासीक प्रसंगार हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामनां भेटयता.

1961 वर्सा ह्या कीर्तवंत दिसा निमाणें पोर्तुगीज गवर्नर जनरलान विजयी भारतीय लश्कर दळांमुखार शरणागती पत्करली आनी पोर्तुगीज सत्तेच्या बंधनातल्यान गोंयच्या स्वतंत्रताये खातीर मार्ग मोकळो जालो. ह्या वर्सा गोंय मुक्तीची 61 वर्सां पुराय जातात, त्या खातीर आयचो हो दीस संस्मरणीय आसा. गोंय मुक्तीचो दीस मनोवपाच्या ह्या इतिहासीक सुवाळयाक वाटेकार जावपाक म्हाका अभिमान जाता. ह्या म्हत्वाच्या दिसा हांव गोंयच्या लोकांक म्हजी उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामनां भेटयता.

स्वतंत्रतायेचो प्रवास दीर्ग आनी कठीण आशिल्लो. मुक्ती चळवळीत गोंयांतल्या आनी भारताच्या हेर वांठारांतल्या स्वातंत्र्य सैनिकांक अनेक कश्ट भोगचे पडले आनी त्याग करचो पडलो. ह्या इतिहासीक प्रसंगार धाडसी आनी पराक्रमी सैनिकांक तशेंच धीट आनी निसुवार्थ स्वातंत्र्य सैनिकांक आमी नमन करप योग्य आसा. तशेंच गोंय मुक्ती खातीर आपल्या मोलादीक जीणेचो त्याग केल्ल्या त्या म्हान आत्म्यांक आमी आर्गां ओपूया. कवी बाकिबाब बोरकरान म्हणला, "तेथे कर माझे जुळती" म्हळयार आपल्या मायभुंयेखातीर त्याग केल्ल्याक हांव हात जोडून नमन करता.

गोंयांक एक खाशेली वळख आसा जी गोंयच्या लोकांनी मुक्ती उपरांच्या काळांत अनेक आव्हांनांक तोंड दिवन सांबाळून दवरिल्ली आसा. 1967 च्या जनमत कौलातल्यान गोंयची ही खास वळख सिध्द जाल्या. 1987 वर्सा मेळिल्लो घटकराज्याचो दर्जो गोंयचो खाशेलो वारसो सांबाळून दवरपाच्या प्रवासातली म्हत्वाची घडणूक जावन आसा. कोंकणीचो भारतीय घटनेच्या 8 व्या परिशिश्टांत जाल्ल्या आस्पावान राज्याची अस्मिताय आनीक घटमूट जाली. ही खाशेली वळख सांबाळून दवरपा खातीर कठीण संघर्श केल्ल्या गोंयचे सगळें फुडारी आनी लोकांचे हांव अभिनंदन करता.

गोंय न्हय फकत विशाल सागर, भव्य चर्ची आनी सोबीत देवळांखातीरच म्हान आसा जाल्यार खुशालभरीत, शांत – मोगाळ आनी वेवसायिक लोकांखातीरय गोंय म्हान आसा, जांणी कला, साहित्य, संगीत, वास्तुकला, पर्यटन, विज्ञान आनी तंत्रज्ञान आनी भौशीक जीणेच्या वेगवेगळया मळार व्हड योगदान दिला.

पर्यटन हे गोंयच्या अर्थ वेवस्थेत भर घावपी एक म्हत्वाचे क्षेत्र. गोंय हे एक बरे पर्यटन स्थळ म्हूण संवसारभर फामाद आसा. गोंय हे सैमान भरिल्ले राज्य आसा. तशेंच गोंय

राज्याक  समृध्द संस्कृती आनी वारसो लाभिल्लो आसा. त्याच बरोबर गोंयचे लोक इश्टागत आन्नी शांतीकायेन रावपी. गोंयांत विंगड विंगड समाजातले लोक सलोख्यान रावतात. आनी अलोकीक सोबितकायेन गोंयांक संवसारातले फामाद पर्यटन स्थळ केला.

प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदीजीन 11 डिसेंबर 2022 दिसा गोंयात मोपा हांगा आंतरराष्ट्रीय विमानतळाच्या पयल्या टप्प्याचे आनी तशेंच अखिल भारत आयुर्वेदा संस्थेचेय व्हर्च्युअली उक्तावण केले. उत्तर गोंयांत मोपा हांगाचो विमानतळ 2,870 कोटी रूपया खर्चून बांदपात येता. दाबोळी विमानतळा व्यतिरिक्त मोपा हो राज्यातलो दुसरो विमानतळ आसा. मोपा विमानतळार पयल्या टप्प्यात वर्साक 44 लाख प्रवाशांक सुविधा दिवपाची तांक आसा आनी पुराय प्रकल्प पुर्ण जाल्या उपरांत हो आकडो वर्साक एक कोटी प्रवाशांमेरेन वाडटलो. दाबोळी विमानतळार कार्गो येरादारीची सुविधा ना, पुण मोपा विमानतळार कार्गो येरादारीची सुविधा आसा.

स्वातंत्र्याच्या 75 व्या वर्सानिमतान (आझादी का अमृत महोत्सव)  30 ऑगस्ट 2022 दिसा   हांवे राज्यपाल निधीतल्यान 71 समाज सेवा संस्थांक ( वृध्दाश्रमां/बालघरां/आसरो घरां/अनाथाश्रमां ) आन्नी डायलिसीस उपचार घेवपी 71 दुयेंतींक अर्थीक मदत दिवपाच्या येवजणे सयत राज्यपाल निधीतल्यान गोंय राज्यांतल्या कॅन्सर दुयेंतीक अर्थीक मदत दिवपाच्या आनीक एका येवजणेची  घोशणा केल्ली. पुण आता मेरेन 91 संस्थां आनी 1005 डायलिसीस/ कॅन्सर/ हेर  दुयेंतींक अर्थीक मदत वितरीत केल्या.

17 सप्टेंबर 2021 दिसा मानादीक प्रधानमंत्र्यांच्या 71 व्या वाडदिसा राजभवनान पणसाची बाग आनी वखदीं झाडांची रोपवाटिका अशो दोन येवजणो सुरू केल्यो. तशेंच 17 सप्टेंबर 2022 दिसा मानादीक प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदीजींच्या 72 व्या वाडदिसा राजभवनान पर्यटकांक आकर्शीत करपाखातीर “गोशाळा” सुरू केली. गोशाळेत 20 गायों आसून तातूंत स्वेतकपीला गायांचो आसपाव आसा. तशेंच राजभवन वाठारांत वखदीं रोपवाटीकेसयत बोन्साय आनी हेर सोबायेच्या झाडांची लागवड केल्या.

“गोंय संपुर्ण यात्रा”  उपक्रमाखाला हांवे राज्यांतल्या सगळयां गांवांनी भेट दिली. 16 म्हयन्यांच्या काळांत हांवे  राज्याच्या दोनीय जिल्ह्यांच्या 12 तालुक्यातले  421 गांव आनी 191 ग्रामपंचायतीची  भोंवडी केली. ह्या भेटींत हांवे देवळां, चर्चीं, सेमिनारी, मसजीदी, गुरूद्वारा आनी हेर इतिहासीक आनी पर्यटन थळांक भेटी दिल्यो आनी सुमार 1500 सरपंच/पंचायत वांगड्यांकडेन संवाद साधलो.

ह्या उमेदीच्या दिसा, जांणी आमकां स्वातंत्र्य दिले, त्या सगळयां म्हान लोकांचो उगडास करून हांव गोंयच्या लोकांक आमच्या देशाचो आनी राज्याचो उज्ज्वल आनी परजळीत फुडार

घडोवपा खातीर स्वता पुर्नसमर्पित जावपाचो उलो मारता, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji
Ph No: 0832-2422675/ 0832-2226047/ 0832-2426168
Fax: 0832-2224211